PANAJI REGIONAL NEW 10.08.2025, 7.20PM

प्रधानमंत्री

भारतीयांच्या सक्रीय आदारान विक्षित भारत 2047 मेरेन शक्य करपाच्या आपल्या सरकाराच्या हेताचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज भर दिलो. गळुरूंत नम्मा मेट्रोच्या तिसऱ्या टप्प्याच्या उक्तावण उपरांत उलयतना तांणी सुदारणा, कामगिरी आनी परिवर्तन हांचे वरवीं भारताक विकसीत देश करपा खातीर आपल्या सरकारान सुरू केल्ल्या पावलांची वळेरी दिली.ताणें म्हायती दिली, ही प्रवास सुरू जाली जेन्ना भारत 2014 पयलीं नाजूक 10 देशां मदीं आशिल्लो.ताणें सांगलें, आतां भारतीय अर्थवेवस्था पांचवी व्हडली आनी वेगान अर्थवेवस्था आसा, मेट्रो रेल्वे पांच शारां वयल्यान 24 शारांनी वाडल्या आनी मेट्रो नेटवर्काच्या मळार संवसारीक तिसरो व्हड आसा.हाचे आदीं प्रधानमंत्र्यान बेंगळुरूंत सुमार 22,800 कोटी रुपयांच्या मेट्रो प्रकल्पांचें उक्तावण, बुन्याद घाली. ताणें बेंगळुरू आनी बेलागवी हांचेमदीं वंदे भारत रेल्वे सेवा ध्वज दिलो. तशेंच अमृतसर आनी कटरा हांचेमदीं वंदे भारत सेवा आनी नागपूर ते पुणे मेरेन दुसरी सेवा ताणें अक्षरशः ध्वज दिलो. ऑपरेशन सिंदूर उपरांत ही ताची पयली बेंगळुरूक भेट असो उल्लेख करतना प्रधानमंत्री हांणी ऑपरेशन सिंदूरांतल्या भारतीय सैन्याक मेळिल्ल्या यशाचेर भर दिलो आनी शिमे पलतडीं खोल आतंकवादी लिपपाची सुवात नश्ट करपाची तांची तांक नोंद केली. आतंकवाद्यांची राखण करपाक आयिल्ल्या पाकिस्तानाक तासां भितर मांडयेर लावपाक भारताच्या बळग्याचेर ताणें भर दिलो. नव्या भारताचें हें नवें मुखामळ पुराय संवसारान पळयलां अशें प्रधानमंत्री हांणी टिप्पणी केली आनी ऑपरेशन सिंदूराच्या यशाक तंत्रगिन्यानाची शक्त आनी संरक्ष

' मेगा अपार नोंदणी

११ आनी १२ ऑगस्ट म्हळयार फाल्यां आनी परां ' मेगा अपार नोंदणी ' दीस पाळून हें दोनूय दिसांभितर सगळया शाळांनी विद्यार्थाच्या अपार वळख क्रमांक नोंदणे खातीर मोहीम आंखची अशें आवाहन शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी केलां. विद्यार्थ्यांची शिक्षणीक प्रगती मेजपाखातीर आनी 'एक विद्यार्थी - एक वळखपत्र ' उद्दिष्ट साध्य करपाखातीर ही मोहीम आंखल्या अशें शिक्षण संचालनालयान प्रसिद्धीक दिल्ल्या पत्रकांत म्हळां. युडायस पोर्टलाचेर वचून आपल्या विद्यार्थ्यांच्यो नोंदी अद्ययावत करच्यो आनी तांचे अपार वळखपत्र तयार करचे अशें आवाहन शिक्षण संचालकांनी केलां.

## कॉलेराचो दुयेंत

मडगाव: दक्षिण गोयांतली मुखेल नुस्तेमारी जेटी आशिल्ल्या कुटबण जेटीचेर एक कॉलेराचो दुयेंत सापडिल्यान हे जेटीचेर जातनायेचे उपाय घेवप सुरू केला.काल ह्या जेटीचेर काम करपी स कामगारांक हागवण सुरू जाल्ल्यान तांका हॉस्पिटलात दाखल केल्ले तातूंत एकल्याक कॉलेरा जाल्ल्याचे दिसून आयलां अशी माहिती साथीचे रोग विभागाचे मुखेल डॉ. उत्कर्ष बेतोडकार हाणी दिली.ह्या दुयेंतीक गोय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलात दाखल केला. जाल्यार हेर पाच जाणांक घरा धाडल्यात अशी माहिती दिली.

सध्या ह्या जेटीचेर काम करपी सगळया कामगारांची वैजकी तपासणी सुरू केल्या.

## ‘संडेज ऑन सायकल

फिट इंडिया संडेज ऑन सायकल चळवळ देशभरांतल्या 40 हजारां परस चड सुवातींनी सात लाखां वयर भाग घेवप्यां मेरेन पावल्या अशें खेळां आनी तरणाटे वेव्हार मंत्री मनसुख मंडाविया हांणी आयज सांगलें.राष्ट्रीय राजधानींत ‘संडेज ऑन सायकल फिट इंडिया’ कार्यावळींत वांटो घेतना मंत्री हांणी अशें सांगलें. ह्या का्यक्रमांत श्री मांडवीयान पंचायत प्रतिनिधीं वांगडा सायकल तिरंगा रॅलीचेर 35व्या फिट इंडिया आयतारा ध्वज दिलो. तांणी भर दिलो की, देशभरांतल्या

50 हजारां परस चड गांवांतल्या पंचायत प्रतिनिधींनी तातूंत वांटो घेवन फिट इंडियाचो संदेश गांवगिऱ्या भारतांत पातळायला.

## नन्सांच्या समर्थनाच्या

छत्तीसगडांत हालींच अटक केल्ल्या आनी उपरांत जामीनाचेर सोडिल्ल्या दोन नन्सांच्या समर्थनाच्या फांटभुयेंर आयज  काउन्सिल फॉर सोशल जस्टिस अँड पीसच्या बॅनरा खाला पणजे  आझाद मैदानाचेर खासा सभा जाली. ह्यावेळार धर्मीक आनी राजकी फुडाऱ्यां सयत वक्त्यांनी अल्पसंख्यांक समाजाचे हक्क आनी हितसंबंद राखपा खातीर गोंय राज्य अल्पसंख्यांक आयोग स्थापन करपाचो उलो ह्य बसके दरम्यान मारला. जाल्यार गोंय हे शांतीकयाने रावपी राज्य. हांगा असा प्रकारच्यो घडणुको  घडच्यो न्ही म्हण सराकरान सादुर रावपाक  जाय, तशेंच  धर्मवाद तयार करी संघटनाआड कडक कारवाय जावपाक जाय अशी मागणी ह्या  सभेदरम्यान जाली.

## भाशण सर्त

खांडोळेच्या सरकारी कला विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान राज्य पांवड्यावेली अखील गोंय आंतर उच्च माध्यमिक भाशण सर्त घडोवन हाडल्या. १२ ऑगस्ट दिसा राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान ही सर्त जातली.

सर्व धर्म समभाव आनी तरणाटे - ह्या विशयाचेर जावपी ह्या भाशण सर्तीत दरेका उच्च माध्यमिक विद्यालयांतल्यान चडान चड दोन सर्तक विद्यार्थी वांटेकार जावंक शकतात. भाशण करपाक चडान चड पांच मिनीटां वेळ दितले. ही सर्त फक्त कोंकणी भाशेतल्यानूच जातली. शब्दोच्चार , आशय , अभिव्यक्ती आनी एकंदर प्रभाव ह्या निकशांचेर सर्तीचे परीक्षण जातले. ११ ऑगस्ट मेरेन सर्ती खातीरची नावा धाडून दिवंची अशे आवाहन खांडोळेच्या सरकारी कला विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाच्यो प्राचार्य डॉ. पूर्णकला सामंत हाणी केलां.

## हर घर तिरंगा

13- 15 ऑगस्ट ह्या काळात हर घर तिरंगा ह्या उपक्रमावरवी प्रत्येक घरात तिरंगा लावपाची कार्यावळ जातली.  नागरीकांमदी देशभक्ती भावना निर्माण

जावची ह्या हेतान हो उपक्रम चालीक लायला अशी म्हायती भारतीय जनता पार्टीचे अध्यक्ष  दामोदर नायक हांणी दिल्या. ते पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्या पत्रकार परीशदेवेळार उलयताले. हर घर तिरंगा ह्या उपक्रमाक सदाच बरो प्रतिसाद मेल्ला. अंदुय तो मेळटलो असो विस्वास ह्यावेळार तांणी व्यक्त केला.  हर घर तिरंगा  उपक्रमाच्या फांटभुयेंर  राज्यातल्या सगळया भाजप मंडळाचेंर खासा वेगेवगळया कार्यावळीचें आयोजन केला. ह्या कार्यावळीत गोंयकारांनी वाटो घेवचो अशेय आवाहन नायक हांणी केला. 15 ऑगस्टाउपरांत तिरंगा काडुन तो वेवस्थित सामाळुन दवरचो, कशाय कसो उडोवचो न्ही अशेय आवाहन तांणी केला हे शिवाय  12-14 ऑगस्ट ह्या काळात  शहिद प्रतिमा स्वच्छता अभियानाचे

आयोजन राज्यात जातले. जाल्यार  14 ऑगस्ट हो देशाच्या फाळणीच्या दिसाच्या फांटभुयेंर  विभिजन विभीशिका स्मृती दिस भाजपावतीन पाळटले. ह्या दिसाच्या  फांटभुयेंर मुक-मोर्चा, सबा, तशेच पाळणेचेच्या इतिहासाचेंर आधारीत प्रदर्शनांचे आयोजन बाजपान राज्यभर आयोजित केला. जाल्यार  17 ऑगस्टाक  भाजपाच्य कार्यकर्त्यांखातीर प्रदेश संघटनात्मक कार्यशाळेचो आयोजन जातली अशी म्हायती दामोदर नायक हांणी दिल्या. ह्या पत्रकार परीशदेक  मुरगावंचे आमदार  संकल्प आमोणकार तशेंच मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हाजीर आशिल्ले.

## ४५-४०  जेसीबल आवाजात  संगती

काजारांक  तशेचं हॉटेलांक  १० उपरांत  ४५-४०  जेसीबल आवाजात  संगती लावंक दिवपाक सराकरान मान्यताय दिवची, सध्या राती १० उपरांत  संगीत लावपाक बंदी आसा , हाका लागुन गोंयच्या ख्रिश्चन समाजातल्या काजारांनी

तशेच  हॉटेल वेवसायिकांक  त्रास जाता अशी आमदार विजय सरदेसाय हांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणीसर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेसाप्रमाण १० उपरांत  संगीत लावपाक मेळना असी जाप दिली, मात  गोंय रज्यात काजारा तशेंच  हॉटेल ववसायिकांखातीर  ह्या प्रस्नाचेंर  किते तरी तोडगो काडपाच्य नदरेतल्यान सरकार पळयतले अशे आस्वासन दिला.विजय सरेदसाय हांणी  क्लबांक  तशेच  हेर  कोणांक  मोट्या मोट्यान संगीत लावपाक दिवचे न्ही, जे गोंयकार पर्यावरण मळावेले हॉटेलकार आसाता, तशेंच  खिश्चन समाजाच्या काजारांक संगीत  लावपाक परवानगी दिवची अशी मागणी ह्यावेळार लांवन धरली.जाल्यार आमदार चंद्रकांत शेट्ये हांणी शिवजंयती आनीक  तशेच  शिगमोत्सव  काळात  संगीत  लावक दिवपाच वेल वाडोवचो अशी मागणी केली. राज्याक  फकत १५ दिसुच राती १० उपरांत  संगीत लावपाक परवानगी आसा, ते भायर  असी परवानगी दिवपाक शकना अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार स्पश्ट केला.

पावस

फावल्या 24  भ्रांत राज्यात  जाग्याचेर हलकौ  पावस पडलौ काय जाग्यांचेर मध्यम स्वरूपात पावस पडला. आज सकाळी नौद जाल्या मायती  प्रमाण फावल्या 24  वरांतSAKALE 28.4, valpai 6.2, सांगे 6.1, dharbandora 4.2, Ponda 2, Panaji 0.6 आणि Old goa 0.2 मिली मीटर पावसाची नोंद झाली